12.09.2026 सकाळी 7.25 am

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग प्रादेशिक खबरो

गोंयात गोरवांक खावपाक लागता त्या चाऱ्याचो उणाव भरुन काडपाखातीर राज्य सरकारान आता गोंय चारो संसाधन उदरगत आराखडो मंजुर केला. गोंय पशुसंवर्धन खात्यावतीन हो आराखडो प्रत्यक्ष चालीक लांवन गोंय चारो कृती दळावरवी ह्या कामाचेर लक्ष दवरपाचो निर्णय सरकारान घेतला. हे खातीर उत्तर गोंयातल्या 10 आनी दक्षीण गोयांतल्या 10 गावांनी चारो पिकावळीची शेती करपाचे सरकारान येवजीला. ह्या पायलट प्रकल्पाखातीर १.३८ कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. गोंयात दुदांचो वेवसाय करतात , तांका गोंरवाक लागपी चारो राज्यात मेळना, हो चारो शेजारच्या राज्यातल्यान मागोवचो पडटा. जाल्यार गोंयांत गरजेच्या तुळेत फकत 40 टक्केच चाऱ्याची पिकावळ घेतात.

गोंयचो पर्यटन हंगाम सप्टेंबर म्हयन्यासावंन सुरु जाता. आम्ही पर्यटकांक येवकार दिवापक सज्ज आसात, मात ते खातीर सरकारान गोंयच्या दर्यादेगेंचेर शॅक घालपाक आमका बेगोबेग परवानगी दिवची अशी मागणी गोंय शॅक मालक संघटनेन पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांची पणजे पर्यटन भवनांत भेट घेंवन केली. पोरु शॅका घालपाक ऑगस्ट म्हयन्यात सुरू जाल्ले. मात अंदु कळाव जाला. चवथी उपरांत बेगोबेग शॅक घालपाक पर्यटन खात्यान परवानगी दिवची अशी मागणी हेवेळार संघटनेच्या जाळवणदारांनी मंत्री रोहन खंवटे हांका केला. हे वेळार पर्यटन मंत्र्यान चवथी उपरांत बेगीनुच शॅका घालपाक परवानगी दिवपाक सुरु करतले अशे आस्वासन दिताना सांगलें...(Byte: rohan khuante) दर्यादेगेंचेर जे दलाल भोवतात, तांचेर आजुनुय पुलिशेन कडक कारवाय करपाची गरज आसा. ते फकत तिकेटीच विकनात, जाल्यार पर्यटकाकं लेगीत नागयतात असो हुस्को पर्यटन मंत्री रोहन खंटे हांणी दलालाच्या प्रस्नाविंशी उलयतना व्यक्त केला.

गोंय साधन सुविदा उदरगत म्हामंडळावतीन म्हापसा -मोरोड्या नव्या सरकारी संकुलाची बिल्डींग बांधपाचो प्रस्ताव म्हामंडळान सराकाराकडेन मांडला. ह्या बिल्डींगेत म्हापसेची वेगवेगळीं सरकारी कार्यालयां एकीकडेन हाडटले अशी म्हायती म्हामंडळाचे अध्यक्ष मायकल लोबो हांणी पणजे पत्रकार

परीशदेत  दिल्या. सुमार ५ हजार चौखण मीटर जागेत ५-६ माळ्याची बिल्डींग म्हापशेंत साकारतले. जाल्यार बिल्डीगेंच्या बांधकामाक सुमार 110 कोटी रुपया अदमाशीत खर्च येतलो. ह्या बिल्डीगेंत १९० कार पार्कींग ,जाल्यार ५०० मोटरसायली पार्क करपाक मेळटल्यो. हांतुन कॅन्टीन, कॉन्फरन्स हॉल, तशेचं हेर सुविदा उपलब्ध आसतल्यो अशी म्हायती मायकल लोबो हांणी दिल्या...

गोयांत केंद्र सरकाराच्या ॲग्रीस्टॅक ही डिजिटल सुविधा सरकारान चालीक लायल्या. शेतकऱ्यांचो डिजिटल कृशी डेटा तयार करप हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश आसा.शुक्रारा मुखेलमंमंत्री प्रमोद सावंत हांणी गोयांत ॲग्रीस्टॅकांत नोंद जाल्ल्या पयल्या पांच शेतकऱ्यांचो भौमान केलो. हे पांचूय शेतकरी सुरला गावातले आसात. ॲग्रीस्टॅकाच्या माध्यमातल्यान दरेक शेतकऱ्याक एक वेगळो डिजिटल आयडी मेळटा. हो आयडी शेतकऱ्याच्या वैयक्तिक माहितीसयत, भौगोलिक संदर्भान नोंद केल्ली जमीन नोंद आनी पिकांवळीच्या म्हायतीकडे जोडिल्ली आसता. ह्या आयडी खातीर शेतकऱ्यांक सरकारी अनुदान, बँकेचें कर्ज आनी तांच्या गरजेनुसार शतकी मळावेले मार्गदर्शन मेळोवप सोंप जातलें. तशेंच सरकारी सेवांचें वितरण पारदर्शक आनी कार्यक्षम जावपाक मदत जातली.

राज्य सरकारान खाजगी बस येरादारी खातीरची ‘म्हजी बस’ येवजण अधिसूचित केल्या. या येवजणेखाला लावार्थी बस मालकांक दर किलोमीटरा फाटल्यान ५ रुपयांचे अनुदान मेळटले, तशेंच वर्सुकी विमा हप्त्या खातीर चडान चड ४० हजार मेळटले. १५ वर्सांपरस पोरन्यो बशी बदलून नवी बस घेवपी मालकांक १० लाख रुपयांची मदत मेळटली. पूण नव्या बशीन उण्यांत उणे २७ प्रवाशी बसपाचा वेवस्था आसपाक जाय. सगळ्या बशिनी 'व्हेईकल लोकेशन ट्रॅकिंग डिव्हायस' आनी ऑटोमॅटिक तिकिट मशीन आसप सक्तीचे आसा. कंडक्टर प्रशिक्षित आसपाक जाय आनी तांणी योग्य गणवेश तशेंच नावांचो बॅज लावपाक जाय.

गोंय वेधशाळेच्या अदमासाप्रमाण, राज्यांन फुडलें दोन दिस पावस पडपाची शक्यताय आसा.

चीनांन चालू आशिल्ल्या आशियाई हॉकी सर्तीच्या पयल्या उपांत्य फेरयेंत भारतीय दादल्यांच्या पंगडान मलेशियाचेर 3-1 अशी मात करून निमण्या फेरीयेंत सुवात मेळयल्या.